17.oct 2025 7.20pm

## नाईक हांच्या उगडासाक आर्गां

सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या उगडासाक आर्गां ओपपाक गोंय सरकारान 19 ऑक्टोबर 2025 दिसा सकाळी 10.30 वराचेर कला अकादमीच्या सभाघरात शोकसभा आयोजीत केल्या. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री श्री. देवेंद्र फडणवीस, गोंयचे आदले मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री आनी मंत्री शोकसभेक उपस्थित रावतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या सगळ्या हितचिंतकांक शोकसभेक हजर रावपाचे आवाहन केला.रवी सिताराम  नाईक हांचो जल्म 18 सप्टेंबर 1946 दिसा फोंडा हांगा जालो. तांणी महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष, कॉग्रेस आनी भारतीय जनता पक्षाच्या तिकेटीचेर वेंचणूक लडयली. तांणी मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री, मंत्री, खासदार आनी आमदार म्हूण गोंयच्या लोकांची सेवा केली.2022 च्या विधानसभा वेंचणूकेत ते भाजपाच्या उमेदवारीचेर फोंडा मतदारसंघातल्यान वेंचून आयले. सध्याच्या मंत्रीमंडळात ते शेतकी, नागरी पुरवण मंत्री आशिल्लें

## रानां हक्कांच्या दाव्यांक मान्यताय

उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी बसकेत साट्रें- सत्तरींतल्या 94 रानां हक्कांच्या दाव्यांक मान्यताय दिल्या. जिल्लोधिकारी पांवड्यावयल्या बसकेंत 101 अर्जांचेर चर्चा जाली. तातूंतले 7 अर्ज उपविभागीय समिती कडेन धाडले.उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव हांणी ही म्हायती दिली. जिल्हो समिती कडेन येवपी अर्ज बसका घेवन बेगीन निकालांत काडटात. अर्जांत कसलीय चूक आसल्यार वा औपचारिकताय पुराय जावंक ना जाल्यार ते परतून उपविभाग समिती कडेन धाडटात. डिसेंबर मेरेन प्रलंबीत आशिल्ले रानां हक्कांचे दावे निकालांत काडपाचे लक्ष्य सरकारान थारायलां. हें लक्ष्य पुराय करपाचे दिकेन काम चालू आसा अशेंय तांणी सांगलें.

## राज्य युवा पुरस्कारां

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारां खातीर अर्ज करपाची मुजत 31ऑक्टोबर 2025 मेरेन वाडयल्या. युवा उदरगतीच्या मळार तोखणायेची सेवा करपी सक्रीय आनी क्रियाशील व्यक्ती आनी आपवावूरपी संघटनां, महाविद्यालयां, युवा क्लब आनी बिगर सरकारी संघटनां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.वैयक्तिक पुरस्कारा खातीर 15 ते 29 वर्सां पिराये मदले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात. अर्ज नमुनो, पात्रतायेचे नेम आनी अटी आनी हेर म्हायती खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या व्हेबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा. इत्सूक युवकांनी ते डावनलोड करून घेवपाक जाता.पात्र युवक, आपवावूरपी संस्थां आनी हेरांनी पुराय भरिल्ले अर्ज केल्ल्या सेवेचे प्रमाणपत्र आनी  दाखल्या सयत ता. 31 ऑक्टोबर 2025 मेरेन खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगा सुपुर्द करचे.  अदीक म्हायती खातीर एपीईओ पांडुरंग नाईक, मो. नं. 8830681588 वा श्रीमती सिंथिया सिक्वेरा, मो. नं. 9823393657 हांचे कडेन संपर्क करचो.

## गृहनिर्माण प्रकल्प

थिये नवो गृहनिर्माण प्रकल्प प्रस्तावीत जाला. हे सुवातेर सुमार ७ कोटी रुपया खर्चून फ्लॅट्स येवपाचे आसात. हो प्रकल्प बांदपा खातीर गोंय गृहनिर्माण मंडळान निविदा मागयल्यात.

गोंय गृहनिर्माण मंडळाचे माडेल थिवी सेक्टर डींत हो प्रकल्प येवपाचो आसा. ह्या प्रकल्पांत २४ सिंगल बेडरूम फ्लॅट, रस्ते आनी दुरीग बांधकाम, घाणयारे उदकाचो प्रकल्प आनी ट्रान्सफोर्मर सुविधेचो आस्पाव आसा. ह्यो सगळ्यो सुविधा उबारपाक सुमार ७.७३ कोटी खर्च अपेक्षीत आसा. निविदा सादर करपा खातीर ०६ नोव्हेंबर २०२५ ही निमणी तारीख आसा, अशी कळोवणी गृह निर्माण मंडळान केल्या.

## वीज खात्यान

वीज खात्यान काणकोण म्हालातल्या चावडी नगर्से वाठारांत सर्वे नं. 171/2, 3, 4 आनी 5 त गोंय कृशी उत्पादन आनी पशुखाद्य मार्केटिंग मंडळ हांगा  नवीन उबारिल्ले 200 केव्हीए ट्रान्सफॉर्मर केंद्र आनी जोडून आशिल्ली वीज यंत्रणां चालू केल्यात आनी ह्यानफुडें ही वीज यंत्रणां तशीच चालू उरतली. ही वीज यंत्रणां मनशाच्या आनी जनावरांच्या जीवाक धोक्याची आशिल्ल्यान लोकांनी तांच्या संपर्कात येवपा पासून पयस रावचे

## CPR जागृताय

१३ ते १७ ऑक्टोबर मेरेन जावपी CPR जागृताय सप्तकांत माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे अशें आवाहन राज्य शिक्षण संचालनालयान केलां. CPR म्हळयार काळजा आताकाच्या अचकीत प्रकरणांत जीण वाचवपी म्हत्वाची कुशळटाय दिवपी अभ्यास. केंद्र सरकारच्या भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सीपीआर करपाक सामान्य लोकां मदीं जागृताय, तयारी आनी क्षमता वाडोवपा खातीर १३ ते १७ ऑक्टोबर २०२५ मेरेन राष्ट्रव्यापी हृदय-फुफ्फुस पुनरुज्जीवन (सीपीआर) जागृताय सप्तक घडोवन हाडला.विद्यार्थ्यांक आनी कर्मचाऱ्यां खातीर सीपीआर प्रतिज्ञा दिवप, उपलब्ध ऑनलायन ट्युटोरियल वापरून फकत संपीडन-सीपीआरचेर प्रदर्शन करप, सीपीआर तंत्र आनी मजतनिसाची भुमिका हांचेर पॅनल चर्चा वा उलोवपाची कार्यावळ करप, आनी सीपीआर जागृतायचेर पोस्टर तयार करप, प्रस्नमाची वा निबंद सर्ती घडोवन हाडप अशे वेगवेगळे जागृताय आनी प्रशिक्षण कार्यावळी घडोवन हाडून सगळ्या शाळांक ह्या म्हत्वाच्या उपक्रमांत सक्रीयपणान वांटो घेवपाची विनंती केल्या. तशेंच शाळांक #CPR4Life2025 ह्या हॅशटॅगाचो वापर करून आपल्या कार्यावळींचीं खाशेलपणां सोशल मिडियाचेर हाडची अशें आवाहन शिक्षण संचालकांनी सगळ्या सरकारी , अनुदानीत मुळाव्या, उच्च मुळाव्या, उच्च, आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या मुखेल्यांक केल्या.

## रायच्यो सरपंच अविश्‍वास संमत

मडगाव: साश्ट तालुक्यातल्या राय पंचायतीच्यो सरपंच जासिंता डायस हांचेआड दाखल केल्लो अविश्‍वास थाराव आयज संमत जाल्ल्यान तांकां ह्या पदावयल्यान सकल देंवचे

पडला. आयज जाल्ल्या मतदानात ६ आड ५ मतांनी हो थाराव संमत जालाे.ह्या आदीं ह्या पंचायतीत उपसरपंचय बदलिल्लो. फाटले उपसरपंच हांणी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान ह्या पदाचेर गाॅडफ्रे आझवल्ड डिसोझा हे वेंचून आयिल्ले.

GST interviw

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.